# <u>गोंया खातीर टपाल खात्याचो वेगळो विभाग आसपाची गरज- मुख्यमंत्री</u>

ता.०९ ऑक्टोबर २०१९

१७ अश्विन १९४१

गोंयच्या युवकांक टपाल खात्यात नोकऱ्यांच्यो संदी उपलब्ध जातल्यो जाल्यार गोंया खातीर वेगळो विभाग (सर्कल) आसपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे मॅक्विनेज पॅलेसीत आयोजीत संवसारीक टपाल दीस कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, टपाल खात्याच्या गोंय विभागाचो आसपाक महाराष्ट्राच्या कांय विभांगामदी आसा आनी ते खातीर गोंयच्या युवकांक टपाल खात्यात नोकऱ्यो मेळप कठीण जाता. जर गोंयाक वेगळो विभाग मेळ्ळो जाल्यार गोंयच्या युवकांक चड रोजगारांच्यो संदी मेळपाक शकतल्यो.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी आदले मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रिकर हांणी मुख्यमंत्री आनी संरक्षणमंत्री म्हुण राज्य आनी देशाच्या विकासाक दिल्ल्या मोलादीक योगदानाची दखल म्हुण टपाल खात्यान तांच्या नावाचे टपाल तिकीट काडपाची मागणी केली.

मुख्यमंत्र्यांन टपाल खात्याच्या सेवेची आनी वेगवेगळ्या उपक्रमांचीय तोखणाय केली.

केंद्रीय आयुष आनी संरक्षण राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी टपाल खात्याच्या सेवेची तोखणाय करून टपाल खाते केंद्र सरकारच्या वेगवेगळ्या येवजणांचो प्रचार करपाचे म्हत्वाचे काम करता, अशें म्हणले.

सुरवातीक मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी गोंयच्या फुलझाडांचे चित्र आशिल्ल्या पोस्टकार्डाचे विमोचन केले. पोस्टकार्डाचे छायाचित्र टपाल विभागाचे कर्मचारी श्री. प्रसन्ना परब हांणी काडिल्ले आसा. ह्या वेळार गोंय विभागाच्या उत्कृश्ट कर्मचाऱ्यांचोय भोवमान केलो.

गोंय विभागाचे पोस्ट मास्टर जनरल डॉ. एन. विनोद कुमार हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. टपाल कार्यालयाचे वरिश्ट अधिक्षक श्री. कोरेगप्पा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

श्रीमती रूपाली म्हाब्रे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्री. आय. डी. पाटील हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/प्रधु /२०१९/६७८


DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR, UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA